**पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाचें 19 डिसेंबर पयली उक्तावण- मुख्यमंत्री**

ता. 16 ऑगस्ट 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पत्रादेवी पेडणे हांगाच्या हुतात्मा स्मारका लागी आयोजीत स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयलो आनी उपरांत हुतात्मा स्मारकाक फुलाहार अर्पण करून स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपली.

स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाचें 19 डिसेंबर पयली उक्तावण करपात येतले, अशें सांगलें. स्वातंत्र्य सैनिकांचो सन्मान आनी तांच्या योगदानाचो उगडास करप म्हत्वाचे आसून सरकारान गोंय मुक्ती चळवळीतले स्वातंत्र्य सैनिक हिरवे गुरूजी आनी शेषनाथ वाडेकर हांचे स्मारक उबारिल्ल्याचें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. आमी स्वातंत्र्य सैनिकांचो आदर करून तांच्या त्यागाचे स्मरण करपाक जाय. 1955 वर्सा गोंय मुक्ती चळवळीत कर्नलसिंग बेनिपाल हांणी केल्ल्या बलिदानाचो आदर करपा खातीर हांवे तांच्या घरा भेट दिवन तांच्या घरकान्नीचो भोवमान केला, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सरकारान नाविन्यपुर्ण तंत्रज्ञान, हरीत ऊर्जा आनी स्टार्टअप येवजणांचेर भर दिवन युवकांक ह्या क्षेत्रांत प्रोत्साहन दिवपा खातीर अनेक उपक्रम सुरू केल्यात. फाटल्या पाच वर्सांत साधनसुविधांच्या विकासा खातीर 30 हजार कोटी रूपया परस चड गुंतवणूक केल्ली आसा आनी फुडल्या पाच वर्सांत नवीन साधनसुविधां खातीर केंद्र सरकार आनीक 30 हजार कोटी दिवपाचे आसा, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान युवकांक ह्या संदीचो फायदो घेवन विकसीत भारत 2047 खातीर मदत करपाचो उलो मारलो.

स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात चांदेल पेडणेच्या बाल भवन केंद्राच्या विद्यार्थ्यांनी सादर केल्ल्या सुंदर अशा देशभक्ती गीत गायन कार्यक्रमाची तोखणाय करून मुख्यमंत्र्यान पर्यावरणाचो सांबाळ करून पेडणे तालुक्याचो शाश्वत आनी सर्वांगीण विकास करपात येतलो, अशें सांगलें.

सुवाळ्याक केंद्रीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्री श्रीपाद येसो नाईक, आमदार प्रविण आर्लेकर, जीत आरोलकर, गोवा दमण दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. रोहिदास रघुनाथ नाईक देसाय, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी स्नेहा गीते, जिल्हा पंचायत वांगडी, सरपंच, सरकारी अधिकारी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/416

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.